०८-०८-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

बांदकाम (दुरुस्ती) विधेयक 2025 -

अनधिकृत बांदकामांक नियमित करपाचो हेतू आशिल्लें अनधिकृत बांदकाम (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 गोंय विधानसभेन काल संमत केलें. जाल्यार अशी घरां कायदेशीर करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान 'म्हजी घर' येवजण चालीक लावपाचो निर्णय घेतला.

ह्यावेळार विरोधकांनी ह्या विधेयकाक विरोध करीत सभापतीच्या आसनामुखार वचुन बोवाळ घालो. फुडले वेंचणुकेच्या राजकी सुवार्थाच्या हेतान हें विधेयक सरकारान मांडलां असो आरोपूंय विरोधकांनी केलो.

जाल्यार मनीसपणाच्या नदरेतल्यान आनी समाजीक-आर्थीक उपाय म्हणून बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ल्ले अनाधिकृत घरांचो प्रस्न सुटावे करपाच्या हेतान हे विधेयक सरकारान हाडला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला,

अनधिकृत बांदकामांचें नियमित करपाच्या ह्या विधेयकांत अनधिकृत बांदकामाचें नियमितीकरण कायदो, 2016 च्या कलम 3 त दुरुस्ती केल्या.

ह्यानआदीं अर्ज करपाक मेळूंक नाशिल्ल्या वा कांय कारणांक लागून अर्ज न्हयकारलेले व्यक्तीं खातीर दोन वर्सांभीतर घर कियदेशीराकरपाखितीर अर्ज करपाची मुजत सरकार दीतले.

गांव पंचायत वाठारांनी 500 चौखण मिटर मेरेन आनी नगरपालिका वा म्हामंडळा खाला आशिल्ल्या वाठारांनी 600 चौखण मिटर मेरेन नियमित करपाक परवानगी सरकार दीतली.

युरी 50

दक्षिण गोय जिल्लो हॉस्पिटलात दोन माळे रिकामे आसा आनी ते नर्सिंग कोलेजी खातीर दवरल्या आणि हांगा येवपी दुयेतींक सुवात नशिल्यान व्हील चेराचेर वा स्ट्रेचराचेर रावचे पडता हातून सरकारान बेगोबेग लक्ष घाल्चे अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हानी शून्य वराचेर केली. ताका आमदार विजय सरदेसाय हानी तेको दिलो.

विरेश - ७०

परंपरीक माटोळेकार आनी रस्त्यार फुला विकपी भायल्या लोकांचो विशय फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय आणी सांत आंन्द्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी सभाघरात शुन्य प्रहार वेळार माडील्लो. ताचेर जाप दितना बाजारात बसपी परंपरीक माटोळेकारां कडल्यान सोपो कर घेवचो

न्ही अशे निर्देश पंचायत आनी पालिकांक दितले. तशेच जे भायले लोक होलसेल दरात फुला विकतांत तांचेर कारवाय करपाचे निर्देश पोलिसांक दितले, अशें आश्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले.

सुभाष शिरोडकर - १२०

राज्यातली १० लाख हेक्टर जमेजमीन लागवडीखाला हाडपाचे उद्दीश्ट आसा. फुडाराक बोरवेलीक दिवपी परवाने बंद जातले, अशें उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकर हांणी सांगले, चर्चे उपरांत सभाघरात उदका पुरवण आनी सहकार खात्याच्या मागण्याक मान्यताय दिली. राज्याक ६८० रे ७०० एमएलडी उदकाची पुरवब उदका पुरवण खाते करता. साळ हांगा २५० एमएलडी उदकाचो प्रकल्प मार्च २०२६ मेरेन पुराय जातलो. साळ प्रकल्पा सयत हेर प्रकल्प पुराय जावन डिसेंबर २०२६ मेरेन उत्तर गोयातली उदकाची समस्या पयस जातली. कालांतरान बोरवेलीक परवाने दिवप बंद जातले. तळी, झ-यो हांची दुरुस्ती करुन फुडाराक हे उदक वापरपाक मेळटले. म्हादयचो प्रस्न फकत गोंयापुरतो मर्यादीत ना. तीनूंय राज्यांनी लवादाच्या निवाड्याक सर्वोच्च न्यायालयात आव्हान दिला. न्यायालयीन तयारी सुरु आसताना अधिवेशना उपरांत दिल्लीत प्रस्न मांडपाचो विचार सरकार करतलो, अशेंय उदका पुरवण खात्याचे मंत्री  सुभाष शिरोडकार हांणी सांगले.

TCP 100

नगर नियोजन खात्याच्या कलम 39 (अ) सकयल २.७० लाख चौखण मीटर जमीनीचो झोन बदल्ला. ६२०० अर्ज आयल्ले तातूंतले फकत २०० अर्जाक मार्गदर्शक तत्वांक खरसाणेन पाळो दिवन मान्यताय दिल्या. अशी म्हायती सांत आंन्द्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी सभाघरात प्रश्नोतर वेळार विचारिल्या प्रश्नाक जाप दितना  नगर नियोजन मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली.
जितले अर्ज आयल्यात तांचे अजून मेरेन झोन बदलाचे निमणी अधिसुचोवणी येंवकना.
झोन बदला विशीं आमी पुराय मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवनच प्रक्रीया करतांत. हातूंत कायद्याचे कसलेच उल्लंघन जायना. जे अर्ज मार्गदर्शक तत्वा आड आसात तांका कशीच मान्यताय मेळना. जर मार्गदर्शक तत्वांचे उल्लंघन जाला आसत जाल्यात ते विशींची विशीष्ट कागाळ दाखल करची, अशें मंत्र्यान सांगले.

हवामान -

राज्यात काय सुवातिनि गडगडासयत वीज आणि पावस पडू येता तशेच वारे ४५ ते 55 किलोमीटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर वाडू येता असो आदमास गोंय वेध शाळेन उकतायला